# गोंयचे सैमीक दायज सांबाळून दवरपाचो राज्यपालाचो उलो

ता. 17 सप्टेंबर 2024

आयज आमी गतीमान युगांत जियेंतात. खऱ्यानीच, जीणेच्या तरेकवार मळावयल्या प्रगतीचेर गतीमान काळाचो म्हत्वपूर्ण परिणाम जावपाक शकता, अशें राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी हांणी सांगलें.

राज्यपाल आयज राजभवनार प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या 74 व्या वाडदिसा निमतान आयोजीत कार्यक्रमात उलयताले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत कार्यक्रमाच्या अध्यक्षस्थानी उपस्थित आशिल्लें. केरळ कोट्टाक्कल हांगाच्या आर्य वैद्य शाळेचे विश्वस्त डॉ. पी. एम. वेरियर आनी तामिळनाडू कोईम्बतूर हांगाच्या आर्य वैद्य फार्मसीचे वेवस्थापकीय संचालक देवीदास वेरियर हे मानाचे सोयरे आशिल्लें. पर्यावरण मंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक राज्यपालान प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांका देशाच्या सेवे खातीर आनी विकसीत भारताचे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर बरी भलायकी आनी दीर्घायुश्य मेळचें म्हूण गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई आनी हेर मानेस्तांच्या वांगडा राजभवनातले चॅपेल, श्री गणेश मंदीर आनी गोशाळेत प्रार्थना केली.

फुडें उलयतना राज्यपालान सांगलें, झाडां संबंदीत पारंपरीक उपचार आनी संवर्धन पद्दती आयजय जगाक चडशी खबर ना आनी त्या खातीर पारंपरीक पद्दतीचो उपेग करून पोरण्यां झाडांचे संवर्धन करपा खातीर राजभवनान चालीक लायिल्लो वृक्ष उपचार चिकित्सा उपक्रम योग्य आसा.

राजभवन वाठारांत आशिल्ल्या 100 वर्सा पोरण्यां झाडांची दुयेसां खातीर तपासणी करून तांचेर उपचार करपा खातीर केरळातल्यान आयुर्वेद दोतोरांक आमंत्रीत केल्यात. तशेंच ह्या उपक्रमाक लागून गोंयकारांक आनी खास करून तरणाट्यांक सैमीक दायज आनी परंपरा तिगोवन दवरपाक उर्बा मेळटली, अशें राज्यपालान सांगलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांका वाडदिसाची परबीं भेटोवन ते शक्तिचें मार्गदर्शक आनी आमच्या देशाखातीर व्हिजन आशिल्ल्याचें सांगलें. तांच्या फुडारपणाखाला देशान न्हय फकत आर्थिक आनी तंत्रज्ञानाच्या मळार जाल्यार भारतीय संस्कृती आनी परंपरा सांबाळून दवरपाच्या प्रगतीच्या बाबतीत उचेली तेंगशी गाठल्या, अशें तांणी सांगलें.

राजभनाच्या उपक्रमांतल्यान राज्यपालान गोंयच्या पर्यावरणाचो सांबाळ करपा खातीर दिल्ल्या योगदानाची मुख्यमंत्र्यान तोखणाय केली आनी गोंयकारांनी पारंपरीक पोरण्या झाडांचे संवर्धन करपाचो उलो मारलो.

डॉ. पी. एम. वेरियर आनी देवीदास वेरियर हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

राज्यपालाचे सचीव श्री. एम. आर. एम. राव हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. विशेश सचीव श्री. आर. मिहिर वर्धन हांणी कार्यक्रमाची म्हायती दिली.

श्री. पी. राधाकृष्णन हांणी वृक्ष आयुर्वेदाचेर उलवप केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/491

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.